15 .11.2025 7.20pm

(इफ्फी)

आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव (इफ्फी) 2025 गोंयांतल्या पांच मुखेल सुवातींनी 20 -28 नोव्हेंबर जातलो, तातूंत मिरामार आनी हेर दर्यादेगांचेर उक्तावण प्रदर्शन जातलें. Convergence of creativity and technology, with Japan as the Country of Focus. ह्या महोत्सवाचो विशय. 17 नोंदींतल्यान वेंचून काडिल्ले दोन गोंयचे चित्रपट - क्लाउडिया आनी द पायलट - दाखयतले. 20 नोव्हेंबराक इफ्फी फ्लोट परेड करून महोत्सव सुरू जाता, तातूंत गोंयचे सांस्कृतीक पंगड आनी उद्देगीक फ्लोट हांचो आस्पाव जाता. प्रतिनिधीं खातीर फुकट येरादारी, भौशीक संलग्नताय स्टॉल, आनी वेगवेगळे सांस्कृतीक कार्यावळी पुराय कार्यावळींत नियोजीत आसात.इफ्फीची ही आवृत्ती तरणाटे निर्माते, एआय आनी बायलां सशक्तीकरण केंद्रीत आसतली: डॉ
ह्या महोत्सवांत ८० परस चड देशांतले सोयरे आनी सिनेमा निर्माते आनी भारत आनी परदेशांतले २७० + सिनेमा एकठांय येतले.

श्रीपाद नायक

उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी आयज खासदार निधीतल्यान 6 दिव्यांग व्यक्तींक मोटरसायकल तशेंच एका दीव्यांग व्यक्तीक electric chair दील्या.हे खातीर 7 लाख 57 हजार रूपया एकुण खर्च केला अशी म्हायती खासदार श्रीपाद नायक हांणी दील्या.आता मेरेन 3 टप्प्यान प्रत्यकी 6 अशा पद्धतीन मोटरसायकली दील्यात . हे शिवाय शाळांच्या IT lab क लागपी कम्पुयटर, प्रिंटर,शाळांक विद्यार्थ्यांच्या येरादारीखातीर लागपी बस , अशी म्हायती ह्यावेळार खासदार श्रीपाद नायक हांणी दील्या.

मुख्यमंत्री

येणाऱ्या काळात गोंयाक पुराय नदरेतल्यान एक आदर्श राज्य करपाखातीर सरकार कटीबद्ध आसा अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. हरवळे साखळी हांगसर श्री रुद्रेश्वर देवस्थान तशेच हरवळे धबधबो आनी सरभोवतणच्या वातावरणाच्या सौंदर्यकरण कामाच्या बुनीयादी फातर बोसोवपाच्या सुवाळ्यात मुखेलमंत्री उलयताले आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपूर्ण गोंयचे सुंदर सपन पुराय करपाखातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या मार्गदर्शनाखाल गोंय सरकार

काम करीत आसा. हरवळें गावात सौदरीकरण करपाखातीर  सरकार प्रयत्न करीत आसा. हरवळे रुद्रेश्वर देवस्थान परिसराचे सौंदर्यकरण जाले उप्रांत पर्यावरण ,रोजगार आर्थिक, सामाजिक ,नजरेतून गावाचो विकास जातली. स्थानिकांक स्वयंरोजगाराच्यो संधी उपलब्ध जाले उतरांत  पर्यटक वाडटले. सध्या गोंयात व्हड प्रमाणात उदरगत जावपाक सुरुवात जाल्या.  .हयावेळार त्यांचे सांगतात केंद्रीय मंत्री तशेच उत्तर गोंयचे  खासदार श्रीपाद नाईक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे ,पर्यटन मंत्री श्री रोहन खवटे, मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट , देवस्थानचे अध्यक्ष यशवंत माडकर आनी हेर मानेस्त हजर आसले. अत्यंत महत्त्वकांक्षी असो हो प्रकल्प पुराय  जाले उप्रांत हरवळे गावाक स्वतःची अशी एक वेगळी ओळख निर्माण जातली आनी चढानचढ पर्यटक या भागात येऊन देव रुद्रेश्वराचे दर्शन घेतले अशे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. हया वेळार भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक, केंद्रमंत्री श्रीपाद नाईक ,पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे आनी हेर मानेस्तांची भाषणां जालीं.

भगवान बिरसा मुंडा 150

मडगाव: भगवान बिरसा मुंडा हांच्या १५० व्या जयंती वर्सा निमतान गोंयांत सुरु केल्ल्या जनजाती गौरव अभियानामजगती आज मडगांवां काडिल्ल्या जनजाती गाैरव यात्रेक व्हड प्रतिसाद मेळ्ळो. मुखेलमंत्री प्रमाेद सावंत हांच्यासयत आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार, भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार आनी हेर फुडाऱ्यांनी हया मिरवणुक यात्रेत वांटो घेतिल्लो. हे संबंदीची कार्यावळ सध्या मडगांवां चालू आसा.हया निमतान मडगावा एक मोटरसायकल मिरवणूक काडिल्ली. हया मिरवणुकीत तरनाट्यांचो उत्स्फूर्त प्रतिसाद मेळिल्लो. हया रॅलीवांगडा भगवान बिरसा मुंडा हांचो पुतळाे आशिल्लो रथ भायर काडिल्लो. रथाचेर मंत्री तवडकार, कामत, फळदेसाय आनी आमदार तुयेकार हे उबे आशिल्ले. हे जनजाती गौरव अभियान ३१ ऑक्टोबराक काणकोण हांगासावन सुरु जाल्ले. फाटले १५ दीस ते निमतान गोंयांत वेगवेगळ्या सुवातींनी कार्यावळी चालू आशिल्ल्यो. आयज हया भव्य मिरवणुके उपरांत जावपी मेळाव्यान या अभियानाची सांगता जातली. आयच्या हया  मोटरसायकल मिरवणुकेत दहा हजार तरणाटे वांटेकार जाल्ले आसात अशी म्हायती या अभियानाचे मुखेली आशिल्ले मंत्री रमेश तवडकार हांणी दिली.

शास्त्रज्ञ सुहास शेटये

विज्ञान विषय शिकतना दरेका विद्यार्थ्याक हजार प्रस्न पडूंक जाय आनी त्या प्रस्नांक शास्त्रीय नदरेन जाप सोदपाची वृत्ती निर्माण जाल्यारूच फुडाराक व्हड शास्त्रज्ञ तयार जातले अशें दोनापावालच्या भारतीय दर्या विज्ञान संस्थेचे शास्त्रज्ञ सुहास शेटये हांणी स्पश्ट केलें. आयज कुर्टी फोंडेंच्या दादा वैद्य हायस्कुलाच्या विज्ञान प्रदर्शनाच्या उक्तावण सुवाळ्याक ते मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. शास्त्रीय पद्दत दवरल्यारच आमच्या प्रस्नांक समाधानकारक जापो मेळूं येतात अशेंय तांणी सांगलें. फोंडा तालुका मर्यादीत विज्ञान प्रदर्शनांत 27 माध्यमीक शाळांनी वांटो घेतलो. ह्या विज्ञान प्रदर्शनाच्या उदघाटन सुवाळ्याक श्री अमेय विद्या प्रसारक मंडळाचो अध्यक्ष श्री संदीप खांडेपारकर, अमेय विद्या प्रचारक मंडळाच्या उच्च माध्यमीक शाळेचे प्राचार्य तशेंच दादा वैद्य हायस्कुलाचे वेवस्थापक सुभाष जाण, दादा वैद्य हायस्कुलाचे मुख्याध्यापिका सुषमा पाटील, उप मुख्याध्यापक, सुशांत उसगांवकार, आनी वेवस्थापन समितीचो वांगडी उमेश कुलकर्णी हाजीर आशिल्ले. ह्या पुराय कार्यावळीच्यो समन्वयक विज्ञान प्रदर्शनाच्यो निमंत्रक शिक्षिका स्नेहा वायंगणकार हांणी पुराय कार्यावळीचे सुत्र संचालन केलें. दादा वैद्य हायस्कुलाच्या माजी विद्यार्थी संघटनेच्या वालवान हें विज्ञान प्रदर्शन आयोजीत केल्लें.

उत्तर गोंय जिल्होन्यायदंडाधिकाऱ्यान गोंयांत जावपी 56 व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या फाटभुंयेर इफ्फीचे कार्यक्रम जावपी पणजी आनी कुठ्ठाळी पुलीस स्टेशनाच्या हद्दीतल्या थळांसावन सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांतलो खंयचोय भौशीक जागो, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या जाग्यांचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं, तरसादीं, भालें वा सुऱ्या सारखी शस्त्रां लागीं बाळगूपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणां दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या.कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, अंतविधी वा खंयचोय खास प्रसंग वा जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांच्या मताप्रमाण विश्वसनीय प्रसंग जाका संबंदीत जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी वा उपविभागीय

न्यायदंडाधिकाऱ्यांकडल्यान पुर्व लेखी परवानगी घेतल्या ताका ही बंदी लागू ना. हो आदेश 19 ते 28 नोव्हेंबर 2025 दिसा मेरेन लागू उरतलो.

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयाच्या खाला पेन्शन आनी पेन्शनर कल्याण खातें 1 ते 30 नोव्हेंबर मेरेन देशभरांतल्या डिजिटल जीवन प्रमाणपत्र मोहीम 4.0 च्या चवथ्या टप्प्याची अंमलबजावणी करतले.ही मोहीम केंद्र सरकाराच्या डिजिटल इंडिया आनी जीवन सुलभतेच्या उद्दिश्टां प्रमाण तयार केल्या. ही मोहिम म्हणजे निवृत्ती वेतन धारकांच्या डिजिटल सक्षमी करणाखातीर राबयलो एक महत्त्वाचो उपक्रम थारतलो.

ढाकात जाल्ले आशियाई तिरंदाज सर्तींत ऑलिंपिक रुप्या पदक जिखपी नाम सु-ह्योनाचेर 7-3 अशी जैत मेळोवन अंकिता भगत भारताची पयली बायलां रिकर्व वैयक्तीक आशियाई चॅम्पियन जाली.